# <u>ऑगस्ट 2021 म्हयन्याचो रेशन कोटा</u>

ता. 22 जुलय 2021

ऑगस्ट-2021 म्हयन्यात अंत्योदय अन्न येवजण रेशन कार्डधारकांक 3 रूपया दरान 35 किलो तांदुळ दितले. अंत्योदय अन्न येवजण प्रधानमंत्री गरीब कल्याण येवजण लावधारकांक जुलय आनी ऑगस्ट म्हयन्याचे मेळून 10 किलो तांदुळ फुकट दितले. प्राधान्यक्रम कुटुंबांक 3 रूपया दरान लावधारका फाटल्यान 5 किलो तांदुळ दितले. प्राधान्यक्रम कुटुंब प्रधानमंत्री गरीब कल्याण येवजण लावधारकांक जुलय आनी ऑगस्ट म्हयन्याचे मेळून 10 किलो तांदुळ फुकट दितले. एपीएल कार्डधारकांक 12.50 रूपया दरान प्रती कार्ड 7 किलो तांदुळ आनी 10 रूपया दरान 5 किलो गंव दितले.

अन्नपुर्णा कार्डधारकांक 10 किलो तांदुळ फुकट दितले. कल्याणकारी संस्थां येवजण कार्डधारकांक तांदुळ 6.15 रूपया दरान आनी गंव 4.80 रूपया दरान वितरीत करतले.

सवाय धान्य दुकान मालकांनी 31 जुलय 2021 मेरेन आपलो धान्य कोटा व्हरून रेशन कार्डधारकांक वितरीत करचो. रेशन कार्डधारकांनी आपलो रेशन कोटा संबंदीत सवाय धान्य दुकानातल्यान व्हरपाक जाय. धान्याविशीं कसलीय कागाळ आसल्यार रेशन कार्डधारकांनी संबंदीत मामलेदार वा नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याकडेन करची.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/609